**बांदकाम कोयराचो शास्त्रोक्त पद्दतीन व्हिलो लावपा खातीर योग्य यंत्रणां तयार करपाची गरज- श्री. काब्राल**

ता. 7 ऑक्टोबर 2022

पर्यावरणाचे प्रदुशण टाळपा खातीर  बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराचो शास्त्रोक्त पद्दतीन व्हिलो लावपा खातीर योग्य यंत्रणां तयार करपाची गरज आशिल्ल्याचे पर्यावरण मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी आयज साळगांव हांगा गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या कार्यालयांत गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ, रिसर्च ट्रायंगल इन्स्टिट्यूट इंडिया, रेजिलिएंट एनर्जी आनी सिंन्टेफ, नॉर्वे हांच्या जोड पालवान "बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराची पर्यावरण पुरक पद्दतीन हाताळणी" ह्या विशयाचेर आयोजीत कार्यशाळा सत्रात उलयताना सांगलें.

श्री. निलेश काब्राल हांणी फुडें सांगलें, म्हापशें वाठारांत सिंन्टेफ, नॉर्वे हांच्या जोड पालवान बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराचो शास्त्रोक्त पद्दतीन व्हिलो लावपा खातीर कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारपाची सरकाराची येवजण आसा. ह्या नियोजीत प्रकल्पात आधुनिक यंत्रणावरवीं शास्त्रोक्त पद्दतीन बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराचो व्हिलो लावपात येतलो.

भौशीक बांदकाम खात्यावतीन बांदकाम कोयराचो योग्य तरेन व्हिलो लावपाखातीर आवश्यक उपाय करपात येतले, अशेंय तांणी ह्या वेळार सांगलें.

भारतातले नॉर्वेचे कोन्सूल जनरल श्री. आर्ने जन फ्लोलो हांणी  बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराची शास्त्रोक्त पद्दतीन हाताळणी करपा खातीर नॉर्वेच्या  सिंन्टेफ चे तंत्रज्ञान वापरिल्ले  खातीर गोंय राज्य कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या प्रयत्नांची तोखणाय केली.

सिंन्टेफ, नॉर्वेचे मुख्य शास्त्रज्ञ डॉ.ख्रिस्तियान जे. एन्जेल्सन हांणी बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराचो शास्त्रोक्त पद्दतीन व्हिलो लावपाविशीं म्हायती दिली.

विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खात्याचे सचीव श्री. रमेश वर्मा हांणी बांदकाम आनी मोडिल्ल्या इमारतींच्या कोयराचो शास्त्रोक्त पद्दतीन व्हिलो लावपा खातीर सगळ्यां संबंदीत यंत्रणाकडल्यान सहकार्याची अपेक्षा व्यक्त केली.

गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ. लेविन्सन मार्टिन हांणी येवकाराचे उलवप केले. आरटीआय संचालक डॉ. गौरव भाटियानी हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/619

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji